**मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांच्या हस्तुकीं युवा नेतृत्व संमेलनाचे उक्तावण**

ता. 13 जानेवारी 2025

राष्ट्रीय युवा दिसानिमतान गोंय विद्यापीठ विद्यार्थी मंडळान उच्च शिक्षण संचालनालय आनी माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाच्या जोड पालवान दरबार हॉल, राजभवन हांगा आयोजीत केल्ल्या युवा नेतृत्व संमेलनाचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आयज जाले. विकसीत भारत, विकसीत गोंय 2047, अशी संमेलनाची संकल्पना आसून देश आनी राज्याचो फुडार घडोवपात तरणाट्यांची भुमिका हाचेर केंद्रीत आशिल्ली.

मेळाव्याक संबोधित करतना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी स्वामी विवेकानंदांच्या शिकवणुकीचो उल्लेख करतना "सगळीं शक्त तुमच्यात आसा, तुमी कित्येय आनी सगळें कित्ये करपाक शकतात." "पयली स्वतःक जाणून घेयात, तेन्नाच तुमची प्रगती आनी विकास जातलो " अशें सांगून तांणी आत्म-जागरूकता आनी आत्म-विकासाचे म्हत्त्व सांगलें. राष्ट्रीय विकासा खातीर व्यक्तिगत प्रगती म्हत्त्वाची आसून विद्यार्थ्यांनी आपली वैयक्तिक वेवसायिक कुशळटाय वाडोवपा खातीर प्रत्येक संधीचो फायदो घेवपाचो उलो मुख्यमंत्र्यान मारलो. "संधी आपल्या मार्गात येतल्यो, तांचो फायदो घेवन विकासाचो मार्ग निवडप हे आपल्याचेर निंबून आसा," अशें सांगून मुख्यमंत्र्यांन तरणाट्यांक तांच्या ताकीचेर लक्ष केंद्रीत करपाचे आनी देशाच्या प्रगती खातीर योगदान दिवपाचोय उलो मारलो.

अखिल भारतीय विद्यार्थी परिशदेचे राष्ट्रीय सरचिटणीस डॉ. वीरेंद्रसिंग सोळंकी हांणी उपस्थितांक संबोधित करतना युवकांमदीं नेतृत्वगुण विकसित करपा खातीर विद्यार्थी संघटनांच्यो वेंचणूको म्हत्वाच्यो आशिल्याचें सांगलें, जे वरवीं विद्यार्थ्यांच्या नेतृत्वाक चालना मेळटा. विकसीत भारत 2047 चे स्वप्न साकार करपा खातीर विद्यार्थी संघटनांच्यो वेंचणूको म्हत्त्वाच्यो आसा. डॉ. सोळंकी हांणी प्रत्येकान स्वामी विवेकानंदांची शिकवण आनी विचारांचे आचरण करून वैयक्तिक विकास करपाची गरज उक्तायली.

कार्यक्रमाक उच्च शिक्षण संचालनालयाचे संचालक डॉ.भूषण सावईकर, गोंय विद्यापीठ विद्यार्थी मंडळाचे अध्यक्ष श्री विनय राऊत, सचीव श्री अंशुल सिनारी, विद्यार्थी आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक गोंय विद्यापीठ विद्यार्थी मंडळाचे अध्यक्ष श्री विनय राऊत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. सिया कामत हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/47

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.